१५.१५.२०२६ सकाळी ८.४०

आकाशवाणी पणजी केंद्र,  प्रादेशिक खबरा विभाग

राष्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयजसावन संयुक्त अरब आमीरात, नेदरलँड्स, स्वीडन, नॉर्वे, इटली ह्या देशांचा स दिसांच्या भौंवडेर आसतले.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अंदू भारताच्या अध्यक्षपदा खाला ब्रिक्स बहुपक्षीयताय घटमूट करपाक, टीकाऊ  उदरगतीक चालना दिवपाक, अर्थीक लवचीकपण वाडोवपाक आनी चड समावेशक संवसारीक वेवस्था तयार करपाक एकठांय येवन वावुरतले अशें सांगलां.
- संवसारीक उर्जेचे दर वाडत आशिल्ल्यान तेल कंपनींनी पेट्रोल आनी डिझेलाचे दर दरेक लिटराक 3 रुपया वाडयल्यात.
- उत्तर प्रदेशांत पावस, वादळ, वीज पडून फाटल्या 36 वरांत 111 जाणांक मरण आयलां आनी 200 जखमी जाल्यात.
- येवपी राष्ट्रीय पात्रताय सह प्रवेश परीक्षा म्हळ्यार नीट तयारेचो नियाळ घेवपा खातीर काल सांजे केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांच्या राबित्या घरा उच्च पांवड्यावेली बसका जाली.
- प्रधानमंत्री ग्रामीण आवास येवजणेचें लावार्थी अधिवेशन आनी महा आवास अभियानाचो राज्य पांवड्यावेलो पुरस्कार वितरण सुवाळो आयज महाराष्ट्रांतल्या सातारा शारांत जातलो.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयजसावन संयुक्त अरब आमीरात, नेदरलँड्स, स्वीडन, नॉर्वे, इटली ह्या देशांचा स दिसांच्या भौंवडेर आसतले. पांच राश्ट्रांच्या भौंवडेच्या पयल्या पांवड्यार ते  आयज युएईक पावतले आनी थंय तांची भेट राष्ट्राध्यक्ष शेख मोहम्मद बिन जायद अल नहयान हांचे वांगडा जातली. दोनूय फुडारी द्विपक्षीय प्रस्नांचेर, खास करून उर्जा सहकार्याचेर, तशेंच परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी आंतरराष्ट्रीय प्रस्नांचेर विचारांचे दीवप घेवप करतले. तशेंच राजकी, सांस्कृतीक, अर्थीक मळार द्विपक्षीय व्यापक रणनिती भागीदारी मुखार व्हरपाचे मार्गांचेर चर्चा करतले. उर्जा सुरक्षा हो ह्या भेटेचो केंद्रीय विशय उरतलो अशी आस्त आसा.

भेटी आदीं प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना विदेश ववहार मंत्रालयांतले अतिरिक्त सचीव असीम महाजन हांणी , उर्जा ह्या संबंदाचो एक मुखेल वाठार आसा अशे सांगले. भारताची सुमार 11 टक्के कच्च्या तेलाची गरज पुरवण करपी युएई फाटल्या वर्सा भारताचो चवथो व्हडलो स्त्रोत आशिल्ल्याचें तांणी नदरेकडहाडलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी अंदूं भारताच्या अध्यक्षपदा खाला ब्रिक्स बहुपक्षीयताय घटमूट करपाक, टीकाऊ उदरगतीक चालना दिवपाक, अर्थीक लवचीकपण वाडोवपाक आनी चड समावेशक संवसारीक वेवस्था तयार करपाक एकठांय येवन वावुरतले अशें सांगलां. उदरगतशील अर्थवेवस्थे मदीं सहकार्याक मुखार व्हरपा खातीर आनी जागतीक दक्षिणेच्या आकांक्षांक आवाज दिवपा खातीर ब्रिक्स एक म्हत्वाची माची म्हणून उदेला अशे नवी दिल्लींत विदेश वेव्हार मंत्र्यां कडेन आनी ब्रिक्स देशांच्या प्रतिनिधी मंडळांच्या मुखेल्यां कडेन संवाद सादतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगला. नवी दिल्लींत चालू आशिल्ल्या ब्रिक्स विदेश वेव्हार मंत्र्यांचे बसकेचे फाटभुयेर ह्यो बसका जाल्यो.

संवसारीक उर्जेचे दर वाडत आशिल्ल्यान तेल कंपनींनी पेट्रोल आनी डिझेलाचे दर दरेक लिटराक 3 रुपया वाडयल्यात. पेट्रोलाचे दर 94.77 रुपया वयल्यान 97.77 रुपया मेरेन वाडल्यात, जाल्यार नवी दिल्लींत डिझेलाचे दर 87.67 रुपया वयल्यान 90.67 रुपया मेरेन वाडल्यात. तेच प्रमाण मुंबयंत आतां पेट्रोलाचो दर लिटराक 106.68 रुपया जातलो जाल्यार डिझेलाचो दर लिटराक 93.14 रुपया मेरेन वाडला. कोलकातााांत पेट्रोलाचो दर 108.74 रुपया मेरेन वाडयला, जाल्यार आतां डिझेलाचो दर लिटराक 95.13 रुपया जातलो.

प्रधानमंत्री ग्रामीण आवास येवजणेचें लावार्थी अधिवेशन आनी महा आवास अभियानाचो राज्य पांवड्यावेलो पुरस्कार वितरण सुवाळो आयज महाराष्ट्रांतल्या सातारा शारांत जातलो. केंद्रीय ग्रामीण उदरगत आनी शेती मंत्री शिवराज सिंग चौहान, महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस, उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे आनी सुनेत्रा पवार हे कार्यावळीक हाजीर आसतले. प्रधानमंत्री ग्रामीण आवास येवजणे खाला लावार्थ्यां खातीर बांदिल्लीं पांच लाख घरां ह्या कार्यावळी वेळार दितले. तशेंच स लावार्थ्यांक घरांचीं चावीं प्रतिकात्मक रितीन भेटयतले. आतां मेरेन देशभर हे येवजणे खाला तीन कोटी घरां बांदल्यांत.

ह्या निमतान केंद्रीय मंत्री शिवराज सिंग चौहान प्रधानमंत्री ग्रामीण आवास येवजणे खाला महाराष्ट्रा खातीर 8 हजार 368 कोटी आनी 50 लाख रुपयांची केंद्रीय मजत 2026-27 वित्तीय वर्सा खातीर मान्यताय दिल्ल्याची घोशणा करतले. ते भायर प्रधानमंत्री ग्राम सडक येवजणेच्या चवथ्या टप्प्या खाला 122 कोटी आनी 98 लाख रुपया मोलाच्या 35 रस्त्याच्या प्रकल्पांक मान्यताय दितले. राज्यांतल्या 35 गांवगिऱ्या रावपाच्या सुवातींनी ह्या प्रकल्पांचो फायदो मेळटलो असो अदमास आसा.

उत्तर प्रदेशांत पावस, वादळ, वीज पडून फाटल्या 36 वरांत 111 जाणांक मरण आयलां आनी 200 जखमी जाल्यात. मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ हांणी जिल्लो दंडाधिकाऱ्यांक आनी संबंदीत अधिकाऱ्यांक बेगोबेग  सर्वेक्षण करपाचे निर्देश दिला. तशेंच दर तीन वरांनी लुकसाण भरपायेची स्थिती अद्ययावत करची अशें तांणी सांगलें. प्रयागराज, भदोही, मिर्जापूर, फतेहपूर, वाराणसी ह्या वाठारांनी चड त्रास जाल्याचे नोंद केला.

येवपी राष्ट्रीय पात्रताय सह प्रवेश परीक्षा म्हळ्यार नीट तयारेचो नियाळ घेवपा खातीर काल सांजे केंद्रीय शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांच्या राबित्या घरा उचा पांवड्यावेली बसका जाली. नीट परिक्षा सुटसुटीत आनी कार्यक्षमतेन चलोवपाच्या वेगवेगळ्या विषया विशीं सविस्तर चर्चा जाली. हे बसकेंत उच्च शिक्षण सचीव, शाळा शिक्षण सचीव, राष्ट्रीय चांचणी एजन्सीचे महासंचालक, सीबीएसईचे अध्यक्ष, केंद्रीय विद्यालय संगठन आनी नवोदय विद्यालय समितीचे आयुक्त आनी हेर वरिश्ठ अधिकाऱ्यां सयत उचेल्या पावन्ड्यावेले अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज आंध्र प्रदेशांतल्या श्री सत्य साई जिल्ह्यांतल्या पुट्टापार्थी हांगा जायत्या एरोस्पेस आनी संरक्षण प्रकल्पांच्या उक्तावण सुवाळ्यांक हाजीर रावून बुन्यादी फातर घालतले. ह्यावेलार मन्त्री सिंग एरोनॉटिकल डेव्हलपमेंट एजन्सीच्या विमान एकीकरण आनी उड्डाण चांचणी केंद्राची बुन्याद घालतले अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलां. विमानांचें एकीकरण, चांचणी, प्रमाणीकरणा खातीर ही सुविधा प्रगत मध्यम झुजारी विमान कार्यावळीच्या विकासाक गती दितली. तशेंच मंत्री सिंग अनकपल्ली जिल्ह्यांतल्या टी सिरासपल्ली गांवांत भारत डायनामिक्स लिमिटेडच्या नव्या अत्याधुनीक नेव्हल सिस्टम्स मॅन्युफॅक्चरिंग फॅसिलिटीची बुन्याद घालतले. आंध्र प्रदेशाचे मुख्यमंत्री एन चंद्र बाबू नायडूय ह्या कार्यावळीक हाजीर रावपाचे आसात.

आगाऊ अधिकृतताय advance authorization येवजणे खाला सरकारान भांगराची आयात करपाक 100 किलो मर्यादा घाल्या, जातूंत दागिने निर्यातदारांक कच्चो वा इनपुट माल शून्य शुल्काचेर आयात करपाक मेळटा. विदेश वेपार महासंचालनालयान भौशीक सुचोवणेंत भांगराची आयात करपा खातीर advance authorization जारी करतले अशे सांगला. हाचे पयलीं हे येवजणे खाला भांगराची आयात करपाक मर्यादा नाशिल्ली.

आखाती झुज आनी अर्थवेवस्थेच्या स्थितीचो विचार करून प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी विदेशी चलन वाटावपा खातीर विदेश भोंवडेचेर निर्बंध घालपाचो उलो मारला. हे फाटभूंयेर गोंय सरकारान मंत्री, आमदार, सरकारी अधिकारी, जिल्हो पंचायत वांगडी, सरपंच, पंच हांचे सयत सरकारी कर्मचाऱ्यांच्या विदेश भोंवडेचेर बंदी घाल्या. सरकारी खर्चान कोणाकूच विदेशी भोंवडी करपाक मेळची ना. अर्थीक खात्यान हो आदेश जारी केला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे आवाहना उपरांत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आपलो ताफोय उणो केला.

ही आसा एक कळोवणी
आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी 'खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. अर्ज करपाची निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा. कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आर एन यू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा - 403001 हांगा सादर करचो. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

भारतीय हवामान खात्यान आयज अंदमान आनी निकोबार जुंवे, अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, केरळ, माहे, आनी दक्षिण कर्नाटकात उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं धर्मशाळा हांगाच्या हिमाचल प्रदेश क्रिकेट असोसिएशन स्टेडियमांत मुंबय इंडियन्सान पंजाब किंग्साक 6 विकेटींनी हारयलो. आयज लखनौ सुपर जायंटस आनी चेन्नई सुपर किंग्स हांचे मदीं लखनौंत सांजे 7.30 वरांचेर मॅच जातली.